**Panaji regional news 23 May 2025, 7.20pm**

**Modi 90**

आतंकवाद आसूं वा अशांतताय पातळावपी माओवादी घटक आपलें सरकार शून्य सहिश्णुताय धोरण पाळटा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. नवी दिल्लींत जाल्ल्या रायजिंग ईस्ट इन्व्हेस्टर्स समिटाचें उक्तावण करतना विकसीत भारत तयार करपा खातीर ईशान्य प्रदेशाची उदरगत म्हत्वाची हाचेर मोदी हांणी भर दिलो. ईशान्य वाठारांत आतां ईशान्येक संद मेळपाची भूंय जावपाक लागल्या अशें सांगून गुंतवणूकदारांक ईशान्य वाठारांतल्या वेगवेगळ्या क्षेत्रांचो सोद घेवपाचो उलो तांणी मारला. उर्जा आनी अर्दवायू सारक्या क्षेत्रां खातीर ईशान्य एक मुखेल गंतव्य जावपाक लागला अशें तांणी सांगलें. ईशान्य हो भारतांतलो सगळ्यांत विविधताय आशिल्लो प्रदेश आनी ही विविधताय ही देशाची तांक अशें तांणी म्हळे

**शाह 70**

ऑपरेशन सिंदूर हो पहलगाम हल्ल्याची  जाप  अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी म्हणला आनी आयज संवसार भारतीय सशस्त्र दळाच्या शौर्याची कदर करता. सरकाराची घटमूट राजकी इत्सा, गुप्तचर संस्थां कडल्यान मेळिल्ली अचूक म्हायती आनी सशस्त्र दळांच्या प्राणघातक कामगिरीक लागून ऑपरेशन सिंदूर यशस्वी जाल्ल्याचें शाहा हाणी म्हणलें. आयज नवी दिल्लींत सीमा सुरक्षा दल (बीएसएफ)च्या  पदग्रहण सुवाळ्यांत उलयतना शाहा हाणी सांगलें,की पाकिस्ताना आड भारतान केल्ल्या बंडखोरी विरोधी कारवायांनी बीएसएफ आनी सशस्त्र दळान व्हड पराक्रम आनी संरक्षणाची खरी बळगें दाखयलां. Byte

**काणकोणा संकल्प दीन** 90

दिलीप वेळीप आनी मंगेश गावकार हांच्या बलीदान दिसा निमतान काणकोणा २५ मे रोजी संकल्प दीन मनयलो वतलो. आदर्श युवक संघ आनी बलराम शिक्षण संस्था हांचे जोड पालवान ही कार्यावळ जातली, अशी म्हायती सभापती रमेश तवडकार हांणी पत्रकार परिशदेत दिली.

उटा आंदोलनावेळार दिलीप वेळीप आनी मंगेश गावकार या तरणाट्यांक मरण आयले. हाका लागून दर वर्सा संकल्प दीन मनयलो वता. अंदूच्या संकल्प दिसाक 2 हजार तरणाट्यांची उपस्थिती आसतली. तरणाट्यांचो फुडार मतीत घेवन संस्कृती, रोजगार तशेच शिक्षणविशयक कार्यावळी संकल्प दीना निमितान जातल्यो, अशें सभापती रमेश तवडकार हांणी पणजेत घेतिल्ल्या पत्रकार परिशदेंत सांगलें.

**इमारतीच्या गॅलरीच्**

मडगांव : मडगांवातल्या गांधीमार्केट वाठारात आयज दनपरां एका पोरण्या इमारतीच्या गॅलरीच्या सज्जाचो कांय भाग कोसळ्ळो. हो कोसळिल्लो भाग इमारतीच्या खाला पार्क केल्ल्या तीन गाडयांचेर पडिल्ल्यान ह्या गाडयांचे नुकसान जाले. तांतल्या एके गाडयेंत ल्हान भुरगो बशिल्लो. मात देवादयेन तांका कांयच दुखापत जावंक ना. मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हांणी ह्या इमारतीची पळोवणी केली. सध्या ही इमारत सील करुन मोडकळीस आयिल्लो भाग मोडून उडोवपाचे काम हातात घेतले अशी म्हायती कामत हांणी दिली.

आयज शुक्रारा दनपरां सुमार एक वरांच्या सुमारास ही घडणूक घडली. ही इमारत पोरणी जाल्ल्यान ह्या आदी हे इमारतीक असुरक्षित इमारत म्हूण घोषित केल्ली. दाेन वर्सां आदी ह्याच इमारतीचाे गॅलरीचो कांय भाग कोसळून पडपाची घडणूक घडिल्ली.

**45"फोटोग्राफी कला**

गोंय सरकाराच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयान 26 ते 30 मे मेरेन सकाळीं 10.00 ते दनपारां 12.00 मजगतीं पणजेच्या पट्टो हांगाच्या संस्कृति भवनांत "फोटोग्राफी कला" ह्या विशयाचेर पांच दिसांची कार्यशाळा घडोवन हाडल्या . 26 मे क सकाळीं 10.00 वरांचेर पणजेच्या पट्टो हांगाच्या संस्कृति भवनांतल्या बहुउद्देशीय हॉलांत उक्तावण कार्यावळ जातली.

**तियात्र अकादेमीत**

ऑफ गोंय अर्ज मागयल्या. हो प्रतिश्ठीतियात्र, गितां आनी संगीताच्या उदरगतींत योगदान दिवपी तरणाट्या प्रतिभेक प्रोत्साहन दिवपा खातीर आनी तांकां मान्यताय दिवपा खातीर स्थापन केल्ल्या जोसेफीन डायस पुरस्कार-2025 खातीर तियात्र अकादेमीत वर्सुकी पुरस्कार 16 वर्सां वयर पिरायेच्या दादले वा बायल कलाकारांक अर्ज सादर करपा खातीर उक्तो आसा. ह्या पुरस्कारांत 10,000/- आनी एक यादस्तीक आसा . जुलय २०२५ वर्सा जावपी खाशेल्या सुवाळ्यांत पुरस्कार स्वीकारपा खातीर वेंचून काडिल्ल्या कलाकारान व्यक्तिगतपणान हाजीर रावचें पडटलें.

**उलोवपाची सर्त**

फ्रेंड्स ऑफ गुड गव्हर्नन्स आनी रवींद्र भवन साखळी ह्यांच्याजोडपालवान येता ते 30 मे 2025 या दिसा सरकारच्या सहा  वर्षाच्याउपलब्धी संदर्भात उलोवपाची सर्त आयोजित केल्या. ही सर्त दोनगटात जातली. 18 ते 25 वयोगटात तशेच 26 ते 60 वर्षांच्यावयोगटाखातीर अशे दोन गट आसात. सर्ती खातीर  25000 , 15000 आनी 10000 अशी इनामां आसात. नाव नोंदणी तशेंच हे संदर्भात चौकशी करपाखातीर साखळी रवींद्र भवनाकडेन संपर्क साधचो अशेआवाहन आयोजकांनी केलां

**हवामान 50**

भारतीय हवामान खात्यान दक्षिण कोंकण, दर्यादेग आनी कर्नाटक घाट, मध्य महाराष्ट्र आनी गोंयांत व्हड पावस पडपा खातीर रेड आनी ऑरेंज अलर्ट जारी केला. आकाशवाणी कडेन उलयतना भारतीय हवामानशास्त्रज्ञ डॉ.आर. आर. के. जेनामानी हाणी म्हणले की फुडल्या दोन ते तीन दिसांत केरळात मान्सूनच्या आगमना खातीर सगली परिस्थिती अनुकूल आसा.

**क्रिकेट 20**

आयपीएल क्रिकेटांत आयज लखनौच्या एकाना क्रिकेट स्टेडियमांर  रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आनी सनरायझर्स हैदराबाद हांचे मदीं खेळ जातलो. ही मॅच सांजवेळा 7:30 वरांचेर सुरू जातली

**मोनिका सिंग**

तप आनी आत्मसंयम हांचेवरवीं शरीर निरोगी जाता आनी मन शांत जाता. आनी हाचें एक मुखेल साधन म्हळ्यार योग आनी खेळ. घर आसूं वा ऑफिस आसूं, शाळा आसूं वा पार्क आसूं, व्यायामाक जिणेचो एक भाग करचो पडटलो अशें सोलापूर जिल्ह्याची  अतिरिक्त जिल्होधिकारी मोनिका सिंग हांणी म्हणला. केंद्रीय संचारण ब्युरो, सोलापूर आनी जिल्लो खेळां कार्यालयान भारत सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयान संयुक्तपणान आयोजीत केल्ल्या दोन दिसांच्या योग सराव शिबिराच्या उक्तावण सुवाळ्यांत ती  उलयताली